# ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर हांचेर आदारीत

# चित्र -पुस्तक



डेविड ए. एडलर, अणकार – अंकिता जांबावलीकार

डॅन ब्रावना कडल्यान सचित्रीत

# ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर हांचेर आदारीत

# चित्र-पुस्तक



डेविड ए. एडलर, अणकार – अंकिता जांबावलीकार

डॅन ब्रावना कडल्यान सचित्रीत

ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर एक गुलाम म्हूण जल्मल्लो. ताका आपलो जल्मदीस केन्ना हें खबर नासलें, पूण तो 1864 वर्सा वा यादवी झूज सोंपता म्हणल्यार 1865च्या शेवटाक आसपाक जाय असो ताचो अदमास. तो मोजीस आनी सुजन कार्वर हांच्या मिसोरी हांगच्या शेता मळ्यांत जल्माक आयलो. थंय ताची आवय मॅरी एक गुलाम आसली.







ज्यॉर्ज आपले आवय विशीं चड काय नकळो आसलो. तो ल्हान आसलो तेन्ना ताका आनी ताचे आवयक, मनशांक उबारून व्हरप्यांनी उबारून आरकानससाक व्हेलीं. एका शेजाऱ्याक ज्यॉर्ज मेळ्ळो आनी ताणें ताका घरा हाडलो, पूण ताका मॅरी मेळ्ळी ना. सुपुल्ल्या ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वरान आपले आवयक परत केन्नाच पळयली ना.




ज्यॉर्जाचो बापूय लेगीत एक गुलाम आसलो, पूण तो जॉर्जाक केन्नाच मेळूंक ना. एका शेजाऱ्याच्या शेतांत ताचो बापूय काम करतालो आनी ज्यॉर्जाच्या जल्मा वेळार एका अपघातांत तो भायर पडलो.

मोजीस आनी सुजन कार्वर हांच्या आलाशिऱ्या खाला ज्यॉर्ज आनी ताचो भाव जेम्स ल्हानाचे व्हड जाले. कार्वर कुटुंबान दोनूय भुरग्यांचो बरे तरेन सांबाळ केलो. ज्यॉर्ज मिस्टर कार्वराक, “अंकल मोझ” म्हणटालो.

ल्हानपणातल्यान ज्यॉर्ज घटमूट नासलो. “म्हजी कूड सदांच जल्म आनी मरण हांचे मजगतीं संघर्श करता,” अशें तांणी उपरांत बरयल्लें. कार्वर कुटुंब ताका शेतांत चड कश्ट करपाक दिनासलें. तो जनावरांक खावड घालतालो आनी घरकामांत सुजन कार्वराक आदार करतालो. ताका पेंवपाक आनी सरभोंवतणच्या रानांनी भोंवडी मारपाक, खूब वेळ मेळटालो.

ज्यॉर्जाचें स्वताचें एक ल्हान पोरसूं आसलें. “म्हाका दर एका अनवळखी गुंड्या विशीं, फुला विशीं, किड्या विशीं, सवण्या विशीं वा दैत्या विशीं जाणून घेवपाची उमळशीक आसली,” आनी “जर एकाद्र्या झाडाचें मूळ वा फूल चुकून म्हजे कडल्यान दुखावलें जाल्यार म्हज्या दोळ्यांतलीं दुकां आटापूंक जाय नासलीं,” अशें तांणी उपरांत बरयलें. तांणी आपलें तें पोरसूं झिली-झोंपांच्या आडोसाक लिपयल्लें कारण त्या वाठारांतल्या लोकांक फुलां फाटल्यान कोणेंय आपलो वेळ वगडावप हीं पिशेपणां दिसतालीं.





कार्वर कुटुंबाक दिसतालें, हेर पाकल्यां भुरग्यां वरी ज्यॉर्जान लेगीत शिकचें. तांणी ताका मातशें मातशें वाचपाक, अक्षरां उच्चारपाक आनी बरोवपाक शिकयलें.

ज्यॉर्जाक खूब कितें समजून घेवपाची उमळशीक आसली. ताचे कडेन वॅब्स्टरर्स एलिमॅण्टरी स्पॅलिंग बूक हें एकूच पुस्तक आसलें. तें ताणें खूब फावटीं वाचलें आनी ताका तें तोंड पाठ जाल्लें. पूण त्या पुस्तकांत ताका कांय जापो मेळ्ळयो नात.

बारा वर्सांचो आसतना, तो लागशिल्ले नेओशोचे आफ्रिकी-अमेरिकी भुरग्यांचे शाळेंत शिकपाक वतालो. थंय तो मारिया आनी एण्ड्रू वॉटकिन्स ह्या निग्रो जोडप्या वांगडा रावपाक लागलो. आपल्या रावपा-खावपाचो खर्च तो घरकाम करून फेडटालो.





ताची “आण्ट” मारिया एक नर्स आसली. खंयच्या-खंयच्या झाडापाल्यान खंयचें रोग निवळावं येतात, हें ज्यॉर्ज तिचे कडल्यान शिकलो. तशेंच वेळाचें म्हत्वूय तिणें ताका शिकयलें. शाळेचे मदले सुटयेंत लेगीत तो घरा धांव मारतालो आनी कपडे उमळपाक मारियाची मदत करतालो. हाका लागून ताका खेळपाक मातूय वेळ उरनासलो.



नेओशो शाळेंतली शिक्षिका, ज्यॉर्जा परस चड काय नकळो आसली. थंय एक वर्स पुराय जावचे पयलींच, ताका दिसलें, आपणें फुडली वाट धरल्यार बरी. ताका फोर्ट स्कॉट केन्ससाक वचपी एक घराबो मेळ्ळो. तो रावतालो थंयच्यान ही सुवात सुमार शंबर मैल पयस आसली. ज्यॉर्ज तांचें वांगडां थंय गेलो.



फोर्ट स्कॉटांत ज्यॉर्ज शाळेक वतालो, एका लागशिल्ल्या पसऱ्यार काम करतालो, आनी विल्डर हावज ह्या हॉटेलार रावपी लोकांची मुस्तायकी धुतालो. थंय तो एका धवड आनी ताच्या कुटुंबा सांगातान रावतालो, आनी तांकांय कामात हातभार लायतालो.



मार्च 1879 वर्सा फोर्ट स्कॉटांत, रुपडीं घातिल्ल्या पाकल्यांच्या एका चोंब्यान एका निग्रो कैद्याक बंदखणींतलो भायर काडलो, ताका दोरयेन बांदलो, आनी पांच इमारती पुंजुल्या मेरेन ताका तांणी झरकटायत व्हेलो. आनी निमाणे ताका गोळ दिवन जळयलो. ज्यॉर्ज वॉशिंगटनान ही क्रूर घडणूक पळयली. बेगिनाच तांणी फोर्ट स्कॉर्ट सोडलें. पूण ते भिरांकूळ रातीचे यादीन, जिवीतभर ज्यॉर्जाची फाट सोडली ना.




थंय सावन तो ओलाथे, कान्सास गेलो. मागीर तांणी पाओला, कान्सासची वाट धरली आनी निमणें मिनियापॉलिस, कान्सासाक येवन तांणी माध्यमीक शिक्षण घेतलें.

कार्वराक अजुनूय ताच्या उतरांनी “गिन्यान मेळोवपाची तान” आसली. 1885त, तांणी पोस्टांतल्यान ह्यायलॅण्ड विद्यापिठाक अर्ज केलो आनी तो मान्य जालो. पूण जेन्ना तो थंय शिकपाक गेलो, तेन्ना तो निग्रो आशिल्ल्यान ताका विद्यापिठांत दाखलो मेळचो ना अशें सांगलें.





म्हणटकीच ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वरान आपल्यो येवजण्यो बदल्ल्यो. तो शेतकामती जालो आनी पश्चिमे कडली पयसुल्ली सुवात तांणी घेतली. उपरांत एके कुडीचें घर तांणी उबारलें. ताच्यो वणटी तण आनी मातयेच्या गुळयाच्यो केल्ल्यो जाल्यार घराचे पाखें दांबर आनी मातयेच्यो केल्ल्यो. त्या भायर तांणी भाजयो लायल्यो, चित्रकला शिकलो आनी साबार इश्ट जोडले.




पूण तो रोखडोच अस्वस्थ जावंक लागलो. ताका अजुनूय शिकपाची भूक आसली. कार्वर पूर्व दिकेन आयोवा गेलो, आनी सप्टेंबर 1890त, तांणी सिम्पसन महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो. ते शाळेंतलो तो पयलो आफ्रिकी-अमेरिकी विद्यार्थी आसलो. तो थंय चित्रकला शिकूंक लागलो पूण रोखडीच एक गजाल ताच्या लक्षांत आयली, आपूण शेती वरवीं आपल्या लोकांक चड मजत करूंक शकतलो म्हूणून. देखून ताणें आयोवा स्टेट कॉलेजींत आपली बदली केली, जंय तो कृषिशास्त्र शिकपाक लागलो.



आयोवा स्टेट कॉलेजींत, कार्वरान भासाभास सर्तींनी भाग घेवपाक सुरवात केली आनी तशेंच थंयच्या जर्मन आनी कला क्लबांचो तो वांगडी जालो. महाविद्यालयाच्या फुटबॉल पंगडाचो प्रशिक्षक म्हूण वावुरपा वांगडाच तो प्रार्थना बसकाय हाताळटालो. देव आनी धर्म हे ताचे खातीर सदांच म्हत्वाचें आसले. तो पर्यावरणा विशीं शिकपाक लागलो तेन्ना ताका दिसले आपूण देवाची निर्मणी शिकता शिकतां आपूण देवाच्या सामको लागीं पावतां.

ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वरान 1894 वर्सा, आयोवा स्टेट कॉलेजींतल्यान पदवी मेळयली आनी थंयचो तो पयलो-वयलो आफ्रिकी-अमेरिकी शिक्षक जालो. तांणी आपलें शिकपूय चालूच दवरलें. 1896 म्हणल्यार तांणी विज्ञान शाखेची पदव्युत्तर पदवी जोडली.





बुकर टी. वॉशिंगटन हो त्या काळा वेल्या आफ्रिकी-अमेरिकी मानेस्तां मदलो एक. ताणें 1896त, कार्वराक आलबामाचे टस्कजी इन्स्टिट्युटांत, आपले वांगडा काम करपाक आपोवणें दिलें. हे संस्थेची स्थापना 1881 वर्सा जाल्ली आनी ती आफ्रिकी-अमेरिकी लोकांक काम करपाचें प्रशिक्षण दिताली, आनी ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर हे संस्थेच्या कृषिशास्त्र विभागाचो मुखेली जालो. आपली फुडली सगळी जीण ताणें थंयच काम करून सारली.







कार्वरान, दक्षीण अमेरिकेच्या लोकांचें आनी खास करून आफ्रिकी-अमेरिकी लोकांचें जिवीत सुदारपाचेर लक्ष केंद्रीत केल्लें. तातूंतले चडशे लोक कापसाची शेती करताले. निरंतर कापसाचे रोंपणेन माती पडींग जाताली, आनी कांय वर्सांनी कापसा रोंटे पुराय पिकाची नाशाडी करताले, जाल्यार हेर बारीक किडे कापसा बोंग्यांत तांतयां घालताले. ह्या दक्षीण शेतकामत्यांक आदार मेळचो म्हुणून ह्या भागांत हेर खंयचीं पिकां बरी वाडूंक शकतात काय हाचो सोद घेवपाचो निर्धार कार्वरान केलो.

भिकणां आनी कणग्याचे शेतीन माती सुपीक जाताली आनी कापसा रोंव्यांचीय ताका भिरांत नासली, हें कार्वरान सोदून काडलें. हीं पिकां म्हणल्यार देवान “आमचे खातीर निर्मिल्लीं दोन व्हड उत्पन्नां आसात,” अशें तो म्हणटालो. पूण दक्षीण शेतकार ह्या दोन पिकांची जितली पिकावळ काडटलें, तितली अमेरिकन लोक खावचे नात हे ताच्या लक्षांत आयले, देखून तो तांचे वेगवेगळे उपेग सोदपाक लागलो.

आपले प्रयोगशाळेंत कार्वरान भिकणांतले मेद, दीख, साकर, खळ आनी हेर रसायनीक भाग वेगळायले.






ह्या घटकांची बारीकसाणेन तपासणी करून तांणी भिकणाचे सुमार तिनशीं वेगवेगळे उप-पदार्थ सोदून काडले, जातूंत भिकणां दूद, पीठ, चीझ, खडीसाकर, आयस्क्रीम, मस्को, शॅम्पू, तोंडाक लावपी क्रीम, गोम, वार्नीस आनी तींत हांचो आसपाव जातालो. तशेंच एका विशिश्ट प्रकारचें भिकणां तेल ताणें तयार केलें आनी त्या काळार पोलियो पिडीत खूब अपंगूळ भुरगें आसतालें, तांचें खातीर तें बऱ्याक पडपाक लागलें.

कणगांतल्यान सुमार शंबरा वयर उपेगी पदार्थ तयार करूं येतात, हेंय तांणी सोदलें. हातूंत पीठ, शारोप, खळ, कॉफी सारके पेय, काकय, गोम, इनाग्र, सोरो आनी कृत्रीम रबर सारकिलें उत्पन्न आसपावतालें.

ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर आपल्या कामाचेर खूब मोग करतालो. “विज्ञान आत्मसात करात आनी तें तुमकां स्वतंत्र करतलें कारण विज्ञान हेंच सत आसा,” अशें तो म्हणटालो.






आपले सोद म्हणळयार देवा कडल्यान आयिल्ले थेट संदेश अशें कार्वर मानतालो आनी म्हणुनूच तो त्या सोदा खातीरचे पयशे घेनासलो. कांय वेळा टस्कजी कडल्यान येवपी वेतन चॅकाचे पयशे लेगीत तो आपल्या खात्यांत घाली नासलो. म्हान संशोधक थॉमस एल्वा एडिसनान हाणें एकदा आपले खातीर काम कर म्हुणून व्हड पगार दिवपाचो प्रस्ताव कार्वरा मुखार दवरलो, पूण तांणी तो मान्य केलो ना. तो फक्त आपल्या लोकांच्या म्हणल्यार आफ्रिकी-अमेरिकी लोकांच्या बऱ्या खातीर वावरूंक सोदतालो.

ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर, लोकां मदल्या बरेपणाचेर विश्वास दवरतालो आनी "आमी सगळे एकामेकांचे भावबंदू आसात," अशें तो मानतालो. तशेंच ताच्या मता प्रमाण "स्वता सारक्या यशस्वी निग्रो मनशान दुसऱ्यांक प्रोत्साहन दिवपाक जाय कारण ह्या एकवटांतल्यानच, हे जातीची प्रगती जगाक दाखोवं येता."










कार्वर सदांच म्हणटालो, “जें आसा त्या सगळयांचें जतन करात. तुजे कडेन जें आसा, तातूंतल्यान तुमकां कितें जाय ताची निर्मिती करात.” 1941 वर्सा, बियो, भिकणां आनी कुकडांच्या पांखां घेवन ताणें आपले हस्तकलेचें प्रदर्शन घडोवन हाडलें. टस्कजीच्या प्रदर्शनांत लेगीत आपली एक्यात्तर चित्रां तांणी प्रस्तूत केलीं, जातूंतलीं चडांत चड चित्रां भाजी, फुलां आनी आलबामाचे मातये सावन निर्मिल्ल्या रंगा पासून तयार केल्लीं. प्रदर्शना विशीं मत मांडटना *टायम्स* अंकान कार्वराक “ब्लॅक लियोनार्दो” हें बिरूद लायलें. साबार क्षेत्रांनी फिशाल आशिल्ल्या ‘लियोनार्दो दा विंची’ ह्या म्हालगड्यांचो संदर्भ दिवन तांणी ताका हें बिरूद लायिल्लें.

आपल्या वावरा खातीर ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वरान जायते पुरस्कार जोडले. 1923त, ‘नॅशनल असोसियेशन फॉर द एडवांसमॅण्ट ऑफ कलर्ड पिपल’ हे संस्थेन ताका ‘स्पिंगार्ण पदक’ फावो केलें. 1939त, शेती रसायनशास्त्रांत केल्ल्या उत्कृश्ट सोदवावरा खातीर ताका ‘थिओडोर रुजवॅल्ट पदक’ भेटयलें.





5 जानेवारी, 1943 ह्या दिसा, टस्कजी इन्स्टिट्युटांत ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर हांणी आपलो निमणो स्वास घेतलो. संवसारभरांतल्या लोकांनी ताच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलें.

# म्हत्वाच्यो तारखो

| | |
|---|---|
| 1864 वा 1865 | डायमण्ड ग्रोव, मिसोरी लागशिल्ल्या शेती मळयार जल्म. |
| 1886 | नेस कावंटी, केन्सास हांगा स्थायीक जाले, आनी ल्हानशें घर उबारलें. |
| 1891-1896 | आयोवा स्टेट कॉलेजींत शिकप. |
| 1896-1943 | टस्कजी इन्स्टिट्युटांत काम. |
| 1921 | युनायटेड स्टेट्स कॉंग्रेस हांच्या एका मंडळा मुखार भिकणांचे वेगवेगळे उपेग सिद्ध करून दाखयले. |
| 1923 | स्पिंगार्ण पदक दिवन सन्मानीत. |
| 1939 | रुजवॅल्ट पदक दिवन सन्मानीत. |
| 1943 | 5 जानेवारीक, टस्कजी इन्स्टिट्यूट, आलबामांत मरण. |

# लेखकाची टिपणी

1921 वर्सा, ज्यॉर्ज वॉशिंगटन कार्वर जेन्ना काँग्रेसच्या एका मंडळा सामकार आयले तेन्ना पयलेच फावट कार्वराच्या वावराची वळख सगळ्यांक पटली. ह्या वेळार विदेशांतल्यान येवपी भिकणांचेर कर बसोवपा संदर्भान काँग्रेस निर्णय घेवपाचें आशिल्ले. ह्या आयात कराचो खूब फायदो अमिरिकी भिकणां शेतकाऱ्यांक जावं येतालो. भिकणांचे विवीध वापर मुखार दवरून, कार्वरान ताचें मोल आनी म्हत्व पटोवन दिलें. तांच्या ह्या म्हणण्याक लागून, तो कर पास जालो आनी कर्वर नामनेक पावलो.

“निग्रो खंयसरूय आसूं पूण थंय सावन दर एका निग्रोन आपली स्थिती सुदारपाचो यत्न करपाक जाय,” अशें बुकर टी. वॉशिंगटन हांणी एटलॅण्टांत, 1895 च्या एका भाशणांत म्हळें. निग्रोंनी अमेरिकी वेवस्थे अंतर्गत काम करपाक जाय, हें तांचें मत. कार्वराची वंश द्वेश समस्ये कडेन पळोवपाची नदर लागीं लागीं टी. वॉशिंगटना सारकीच आशिल्ली. 1937त, कार्वरान बरयलें “आमकां दिसता तितलो आमचो रंग आमकां फाटीं ओडना हे आमच्या मनशांक दाखोवन दिवपाचो हांव यत्न करतां.”

कार्वर आनी टी. वॉशिंगटनाचें मत डब्ल्यू. ई. बी. ड्यू बॉय्स सारकिल्या उग्रवादी निग्रो फुडाऱ्यांक मिळमिळीत दिसतालें. तांकां निग्रो खातीर समान हक्क जाय आशिल्ले.